# NATIONAL NEWS, 16 FEBRUARY 2025, 6.30 PM

राष्ट्रपती 100

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी आयतारा नवी दिल्लींत आदी महोत्सव 2025 चें उक्तावण केलें.

देशांतल्या आदिवासी लोकांची परंपरा आनी जिणे पद्दत राष्ट्राची संस्कृताय समृध्द करता अशें ह्या वेळार संबोधीत करतना राश्ट्रपती मुर्मू हांणी सांगलें.

अंदूच्या अर्थसंकल्पांत आदिवासी कल्याणा खातीर बजेट तीन पटींनी वाडलां अशें तिणें सांगलें. आदिवासी समाज वयर सरत जाल्यारूच देश विकसीत जातलो अशें तिणें सांगलें.

भारतांतल्या आदिवासी समाजाची जिवंत संस्कृताय, दायज आनी अर्थीक तांक मनोवपाचो आनी लोकांक दाखोवपाचो आदी महोत्सवाचो हेत आशिल्ल्याचें तांणी सांगलें.

ह्या महोत्सवांत संयश्यां वयर आदिवासी कारागीर, 500 कलाकार, आनी 25 आदिवासी खाणां-जेवणाचीं दालनां मांडल्यांत. हातूंत तिसां परस चड राज्यां आनी केंद्र शासित प्रदेशांच्या वेगवेगळ्या परंपरांचें दर्शन घ़डटलें.

PM 50

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपांत आयोजित केल्ल्या भारत टॅक्स कार्यावळीत वांटो घेतलो.

भारत टॅक्स हें कापड उद्देगाचें जागतीक प्रदर्शन फाल्यां मेरेन चालू आसतलें. कच्चो म्हाल ते तयार उत्पादनां मेरेन कापड साखळेंतल्या सगळ्या उत्पादनांचे हातूंत प्रदर्शन जाता. प्रदर्शना वांगडाच वेगवेगळे परिसंवाद आनी प्रशिक्षण कार्यावळीय सुरू आसात.

एस जयशंकर 125

पुराय संवसार परिवर्तनाच्या काळांतल्यान वता आनी भारतीय सागर संमेलन अशा ह्या काळांत जाता अशें विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस जयशंकर हांणी आयज ओमानांतल्या मस्कतांत जाल्ल्या आठव्या भारतीय सागर संमेलनांत सांगलें.

जागतीक वेवस्थेंत जावपी बदल फकत नव्या विचारांनी आनी सिध्दांतांतल्यान न्हय तर उदयाक येवपी परिस्थितींतल्यान लेगीत समजूंक मेळटात अशें तांणी सांगलें. भारतीय सागर वाठार लेगीत ह्या नेमा परस वेगळो ना अशें डॉ जयशंकर हांणी म्हळें. भारतीय सागर संमेलन जायत्या भागधारकांक एकठांय हाडटा अशें डॉ जय़शंकर हांणी सांगलें.

भारत-अस्तंत आशिया-युरोप अर्थीक कॉरिडोरा खातीर सामुहीकतेचे भावने विशीं तांणी चर्चा केली.

चीन-पाकिस्तान अर्थीक कॉरिडोर प्रकल्पा विशीं उलयनां तांणी सांगलें, जोडणी सारकिले प्रकल्प सल्लो आनी पारदर्शकताये वरवीं सुरू जावपाक जाय.

भारत व्हिएतनाम आनी मॉरिशियसा सयत हेर देशांच्या नौदळ आनी दर्यादेग तटरक्षकांक लेगीत प्रशिक्षण दिता अशें विदेश वेव्हार मंत्र्यांनीं सांगलें.

दिल्ली 80

काल रातीं नवी दिल्ली रेल्वे स्टेशनाचेर जाल्ल्या चिड्डामुड्डेची चवकशी करपा खातीर स्थापन केल्ले समितींत

रेल्वेचे प्रधान मुखेल वेपारी वेवस्थापक नरसिंह देव आनी प्रधान मुखेल सुरक्षा आयुक्त पंकज गंगवार हांचो आसपाव आसा.

समितीन चवकशेक सुरवात केल्या आनी नवी दिल्ली रेल्वे स्टेशनावेली पुराय व्हिडियो फुटेज चवकशे खातीर मागयल्या. दिल्ली पुलिशेनूय हे घडणुकेची चवकशी सुरू केल्या.

मजगतीं, काल रातीं नवी दिल्ली रेल्वे स्टेशनाचेर जाल्ल्या चिड्डामुड्डेंत मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो एजन्सीच्या अहवाला प्रमाण 18 मेरेन पावला. हातूंत 11 बायलां आनी पांच भुरग्यांचो आसपाव आसा.

चेंज ऑफ गार्ड 70

राष्ट्रपती भवनाच्या वाठारात आयज नव्या स्वरूपांत चेंज ऑफ गार्डाचो उक्तावण सुवाळो जालो. ह्या वेळार राश्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाजीर आशिल्ली.

हो सुवाळो सामान्य लोकां खातीर शेनवारा 22 फेब्रुवारी सावन उक्तो जातलो. हातूंत संगीत आनी हेर कार्यावळींचो आसपाव आसा.

ह्या सुवाळ्या वेळार राष्ट्रपतींचे अंगरक्षक आनी ब्रास बँडा वतीन सैन्य ड्रिलाचें प्रदर्शन जातलें.

हें कार्यावळींत वांटेकार जावपा खातीर विजिट डॉट राष्ट्रपति भवन डॉट जी.ओ.व्ही डॉट इन वॅबवायटी वरवीं पास ऑनलायन घेवपाची सोय आसा.

मंत्री अश्विनी वैष्णव 80

उण्या आनी मध्यम उत्पन्ना गटांचेर लक्ष केंद्रीत केल्ल्यान अर्थवेवस्था नेटान वाडपाक मजत जाल्या अशें म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी दिल्या .

सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देग आनी शेतकारांक चालना दिवप, तशेंच उण्या आनी मध्यम उत्पन्नाच्या गटांचेर लक्ष केंद्रीत केल्ल्यान सगळ्या क्षेत्रांच्या सर्वांगीण उदरगतींत मदत जाल्या अशें बेंगळुरूंत पत्रकारां कडेन उलयतना तांणी सांगलें .

करांत व्हड प्रमाणांत कपात केल्ल्यान मध्यम वर्गाक फायदो जाला. यु.पी.एच्या काळांत गुंतवणूक रक्कम फकत 2.5 लाख कोटी रुपया आशिल्ली, पूण आतां ती वाडून 15 लाख कोटी रुपया जाल्या अशें मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें.

------------